१२.०५.२०२५ सकाळी ७.२५

आकाशवाणी पणजी - प्रादेशिक खबरो

देशांत निर्माण जाल्ले झुजासारक्या परिस्थितींत गोंय पुलीस हाय अलर्टाचेर आसात. राज्यांतल्या म्हत्वाच्या सुवातींनी, पर्यटन थळां, दर्यादेग आनी हेर संवेदनशील सुवातींनी पुलीस सुरक्षा वाडयल्या. खास करून दर्यादेगेवेल्या पुलीस आनी पर्यटन पुलिसांक दुबावीत गजालींचेर बारीक नदर दवरपाचो आदेश दिला. विमानतळ, रेल्वे स्टेशनां, बस स्टँण्ड, बाजारपेठे आनी हेर गर्दीच्या सुवातींनी अतिरिक्त सुरक्षा तैनात करतले, अशी माहिती पोलिसां कडल्यान मेळ्ळी.मेळिल्ले म्हायती प्रमाण, झुजा सारकी परिस्थिती पळोवन भारतीय राखीव बटालियन (आयआरबी) आनी गोंय पुलीस हांचो सुटयो रद्द केल्यांत. आणीबाणीच्या वेळार मनीसबळाचो उणाव येवचो न्हय हे खातीर हो निर्णय घेतलां. ते प्रमाण बॉम्ब विरोधी पंगड, आतंकवाद विरोधी पंगड आनी सुरक्षा खात्याक अतिरिक्त कर्मचाऱ्यांची वेवस्था केल्या. बिराडकार रावप्यांची आनी विदेशी नागरिकांची व्हड प्रमाणांत तपासणी मोहीम पुलिसांनी सुरू केल्या.पुलिसांनी सुरू केल्ल्या खाशेल्या मोहिमेत आतां मेरेन 600 विदेशी नागरिकांची तपासणी केल्या. तशेंच 22,229 बिराडाक रावपी, 556 अनवळखी व्यक्ती, 515 काश्मीरी व्यक्तींची तपासणी केल्या. 2,467 दुबावीत लोकांक ताब्यांत घेतले.

मुखेल मंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांचे हस्तुकीं आयज आमोणेच्या पंचायतीच्या नुतनीकरण केल्ल्या ईमारतीचें अटल टिंकरींग ब्लोक,आनी वेस्ट स्टोरेज शेडिचें उक्तावण जालें.मुखेलमंत्र्यांचे हस्तूकीं आर्टिफिशीयल टर्फ,आनी सरकारी विध्मालयाच्या खेळामैदानाच्या नुतनीकरणाच्या कामाचो ताणी बुनयादी फातर बसयलो.कार्यावळी उपरांत ताचे हस्तुकीं गोंय शालांत मंडळाच्या परीक्षेंत पास जाल्ल्या विध्यार्थ्यांचो भोवमान जालो तशेंच मुखेलमंत्र्यानी विध्यार्थ्यांक वेदांत उत्कर्श शिश्यवृत्यो भेटयल्यो.

विचार बरे आसल्यारूच आचरण बरें जातलें आनी ताचे वरवीं विद्यार्थी आपली प्रगती करपाक शकतलो अशें वेदमूर्ति भार्गव टेंगसे हांणी स्पश्ट केलें. श्री विजयादुर्गा देवस्थान आनी सांस्कृतीक मंडळान फोंडा तालुक्यातल्या केरी गांवांत आयोजीत केल्ल्या २१ दिसांच्या निवासी प्राथमीक ब्रह्मचर्य वर्गाच्या समारोप सुवाळ्यांत ते आयज उलयताले. सगळ्या विद्यार्थ्यांनी वेदांचो अभ्यास केल्यार बरें, पूण अशा प्राथमीक ब्रह्माचार्यश्रम वर्गाचो आमच्या व्यक्तिमत्वाच्या विकासा खातीर हेर जायते फायदे आसात अशें तांणी सांगले.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज नवी दिल्लींतल्या आपल्या निवासस्थानाचेर उच्च पांवड्यावेली बसका घेतली. संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग, विदेश वेव्हार मंत्री डॉ. एस. जयशंकर, राष्ट्रीय सुरक्षा सल्लागार अजित डोवळ, संरक्षण कर्मचारी मुखेली जनरला अनिल चोहान, लश्करी मुखेल जनरल उपेंद्र द्वीवेदी, नौदळ मुखेली ॲड्मीरला दिनेश के त्रिपाठी, हवाई दळ मुखेलीअमर प्रित सिंग हयावेळार हाजीर आशिल्ले. काल दोनूय देशांचे लश्करी कारवाय महासंचालक (डीजीएमओ) एकामेकां कडेन उलयले उपरांत दोनूय देशां मदीं जाल्ल्या झुजबंदी उपरांत ही बसका जाल्या. आयज दोनूय देशांचे डीजीएमओ परतून उलोवपाचे आसात. पाकिस्तानान केल्ल्या युद्धविराम उल्लंघनाची नवी दिल्ली सामकी गंभीरतायेन दखल घेता अशें विदेश वेव्हार सचीव

विक्रम मिस्त्री हांणी पत्रकारां कडेन उलयतना सांगलें. सशस्त्र दळ परिस्थितीचेर खर नदर दवरतात आनी आंतरराष्ट्रीय शिमेचेर तशेंच नियंत्रण रेशेचेर उल्लंघन जाल्यार खंयच्याय घडणुकेक खरपणान वागपाची सुचोवणी दिल्या अशें तांणी सांगलें.

भारतीय हवामान खात्यान उक्तायल्या अदमासा प्रमाण फावोश्या वातावरणाक लागून मान्सून केरळांत २७ मे मेरेन पावतलो.मान्सुनाक केरळांतल्यान गोंयांत पावपाक ४ते५दीस लागतात.हाकालागून मान्सून केरळांत पावपाचो अदमास खरो थारलो जाल्यार तो गोंयांत १ते२ जुन मेरेन पावपाक शकता.
ईतले मजगतीं हवामान खात्यान दिल्ल्यान म्हायती प्रमाण पणजेंत चडांत चड तापमान ३५ अंश सेल्सियस जाल्यार उण्यांत उणे तापमान२७ अंश सेल्सियस नोंद जालां.फुडले स दीस गोंयांतलें चडांत चड तापमान ३५अंश सेल्सियस जाल्यार उण्यांत उणें तापमान २७ अंश सेल्सियस मेरेन आसपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायल्या. हया काळांचडांत चड तापमानांत व्हडलो बदल जावचो ना.

बायलां क्रिकेट खेळांत काल कोलंबोच्या आर प्रेमदासा स्टेडियमाचेर जाल्ले निमाणे मॅचींत भारतान श्रीलंकेचेर 97 धांवड्यांनी मात करून ट्राय नेशन एका दिसाची मालिका जिखली. पयली फलंदाजी करपाची निवड करून भारतान 50 ओव्हरींनी 7 गडे वगडायत 342 धांवड्यो केल्यो.